**1 एप्रिलाक प्रधानमंत्र्याचो 'परीक्षा पे चर्चा' संवाद कार्यक्रम**

30 मार्च 2022

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी 1 एप्रिल 2022 दिसा 'परीक्षा पे चर्चा' कार्यक्रमा वरवीं विद्यार्थी, शिक्षक आनी पालकांकडेन संवाद साधतले. प्रधानमंत्री विद्यार्थ्यांनी परीक्षेचो ताण आनी संबंदीत विशयांचेर विचारिल्ल्या प्रश्नांक जापो दितले.

देश कोविड-19 म्हामारीतल्यान भायर सरता आसतना आनी परीक्षा ऑफलाइन सूरू जाता आसतना ह्या कर्यक्रमाचे म्हत्व वाडला. 21 व्या शेकड्यातल्या ज्ञानाचेर आदारीत अर्थवेवस्था निर्माण करपाखातीर 'परीक्षा पे चर्चा' सारख्या उपक्रमांक म्हत्त्व आसा.

'परीक्षा पे चर्चा' कार्यक्रमाची 5वी आवृत्ती नवी दिल्लीच्या तालकटोरा स्टेडियम हांगाच्यान सकाळी 11 वरांचेर इंटरएक्टिव्ह स्वरूपात जातली. देश-विदेशातले करोडानी विद्यार्थी, शिक्षक आनी पालक हातूंत सहभागी जातलें. ऑनलाइन सर्जनशील लेखन सर्तीच्या आदाराचेर शॉर्टलिस्ट केल्ले विद्यार्थी, शिक्षक आनी पालक प्रधानमंत्र्याक प्रश्न विचारूक शकतले. ही सर्त 28 डिसेंबर 2021 ते 03 फेब्रुवारी 2022 मेरेन MyGov प्लॅटफॉर्मावरवीं आयोजीत केल्ली. सर्जनशील लेखन सर्तीखातीर ह्या वर्सा 15.7 लाखांपरस चड नोंदणी जाल्ली.

कार्यक्रमाचे थेट प्रक्षेपण दूरदर्शन (डीडी नॅशनल, डीडी न्यूज, डीडी इंडिया), रेडिओ चॅनल्स, टीव्ही चॅनलां सयत डिजिटल मीडियाच्या सयत EduMinoflndia, narendramodi, pmoindia, pibindia, YouTube चॅनेलांचेर दूरदर्शन नॅशनल, MyGovIndia, DDNews, राज्यसभा टीव्ही, स्वयंम प्रभा चॅनलांचेर करतले. राज्यांतल्या सगळ्यां शिक्षणिक संस्थांनी आपले विद्यार्थी, शिक्षक आनी पालकांक वयल्या तारखेक आनी वेळेत ह्या कार्यक्रमात सहभागी करून घेवपाचो उलो मारला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/209

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji